Panaji National 4th May 2026 8.40am

अस्तंत बंगाल, केरळम, तमिळनाडू, आसाम-आनी केंद्रशासीत प्रदेश पुडुचेरी विधानसभा वेंचणूके खातिरची मत मेजणी आज जाता.
सात विधानसभा मतदारसंघांतल्या पोटवेंचणुके खातीर मतमेजणी सुरू आसा.
संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज उत्तर 'नॉर्थ टेक सिम्पोजियम' चें उद्घाटन करतले.
भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडात  गडगड आनी कऱ्यांच्या पावसाचो अदमास उक्तायला.
IPL क्रिकेटांत, काल गुजरात टायटन्सान पंजाब किंग्साचेर चार विकेटींनी जैत जोडले.

Elections – 130
अस्तंत बंगाल, केरळम, तमिळनाडू, आसाम-आनी केंद्रशासीत प्रदेश पुडुचेरी विधानसभा वेंचणूके खातिरची मत मेजणी आज जाता. आयज सकाळीं 8 वरांचेर मत मेजणी सुरू जाल्या. टपाल मतपत्रिकांची मेजणी पयलीं सुरू जाली, आनी ooprant इलेक्ट्रॉनिक मतदान यंत्रांतल्या (EVMs) मतांची मेजणी jata. दनपारां मेरेन  सुरुवातीचे कल हातांत येवपाची शक्यताय आसा.
चारूय राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांत मत मेजणी शांततायेन आनी सुरळीतपणान जावची हाका लागून वेंचणूक आयोगान कडक सुरक्षा व्यवस्था केल्या. ही मतमेजनी आसामांतल्या 126, केरळांतल्या 140, तमिळनाडूंतल्या 234, पुडुचेरींतल्या 30 जाग्यांखातीर  जाता.
अस्तंत बंगालांत आयज 293 जाग्यांखातीर मतमेजणी जाता. राज्यांत ह्या म्हयन्याच्या 21 तारखेक फाल्टा विधानसभा मतदारसंघा खातीर फेरमतदान जातलें आनी ह्या जाग्या खातीर मतमेजणी 24 मे दिसा जातली. पांच राज्यांतल्या सात विधानसभा जाग्यांचेर जाल्ल्या पोटवेंचणुके खातीर मतामेजणीय सुरू जाल्या. ह्यो सात सुवाती आसात गुजरातांतलीं उमरेठ; कर्नाटकांत बागलकोट आनी दावनगेरे

दक्षिण; महाराष्ट्रांतली राहुरी आनी बारामती; नागालँडांत कोरीडांग; आनी त्रिपुरांतलें धर्मनगर.

Rajnath Singh – 90

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज उत्तर प्रदेशांतल्या प्रयागराजांत ‘रक्षा त्रिवेणी संगम - तंत्रज्ञान, उद्योग आनी सैनिक क्षमतेचो संगम’ ह्या विशयाचेर ‘नॉर्थ टेक सिम्पोजियम’ चें उदघाटन करतले. तीन दिसांची ही कार्यावळ भारतीय लश्कराची उत्तर कमांड आनी सेंट्रल कमांड आनी सोसायटी ऑफ इंडियन डिफेन्स मॅन्युफॅक्चरर्स (SIDM) हांणी संयुक्तपणान आयोजीत केल्या. संरक्षण मंत्रालयान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, हें अधिवेशन कार्यात्मक आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर अद्ययावत स्वदेशी तंत्रज्ञानाचें प्रदर्शन आनी एकत्रीकरण करपा खातीr एक जिवंत व्यासपीठ म्हणून काम करतलें. दोनशें ऐंशी परस चड कंपनीं आपले नवे नवनिर्माण आनी तंत्रगिन्यान दाखोवपी स्टॉल उभारतले.

Panchayati – 115

पंचायाती राज मंत्रालय आज सावन नवी दिल्लींत 'पंचायत विकास आराखडो तयार करप' या विशयाचेर दोन दिसांची राष्ट्रीय कार्याशाळा घडोवन हाडटले. डेटा-आधारीत आनी तळागाळांतल्या लोक सहभागांतल्यान नियोजन घटमूट करप हो या कार्याशाळेचो मुखेल हेतू आसा. ही कार्याशाळा २०२६-२७ वर्साचे पंचायत विकास आराखडे 'सोळाव्या वित्त आयोगाच्या' अटीं कडेन सुसंगत आसा हाजी खात्री करतली अशें मंत्रालयान सांगलें. पंचायाती राज मंत्रालयाचे सचिव विवेक भारद्वाज आनी हेर अधिकाऱ्यांच्या उपस्थितीत या कार्याशाळेचें उक्तावण जातलें. ह्या कार्यशाळेत सरकारचे वरिष्ठ अधिकारी, राज्या आनी केंद्रशासित प्रदेशांचे प्रतिनिधी आणि पंचायत राजातले मुखेल घटक एकठांय येतले अशी म्हायती मंत्रालयान दिल्या.

या दोन दिसांच्या कार्याशाळेंत तांत्रिक सत्रां आसतली, जंय राज्य आनी केंद्रशासित प्रदेशांचे पंगड नव्या पोर्टलचेर उपजीविका, भलायकी आनी बाल-स्नेही प्रशासन संयत धा विशयांचेर प्रारूप आराखडे तयार करतले.

Fire Safety – 50

भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालय, सगळ्या राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या आनी संबंदीत केंद्रीय मंत्रालयांच्या आनी खात्याच्या सहकार्यान, देशभरातल्या

भलायकी सेवा सुविधांनि, उज्या संबंधित धोक्यांचे प्रतिबंध आनी उणे करपाचे महत्त्वाबाबत जागृटाय निर्माण करपाच्या उद्देशान आयज सावन देशभर 'अग्निसुरक्षा सप्तक' पाळटले. केंद्रीय भलायकी सचिव पुण्या सलीला श्रीवास्तव, नवी दिल्लींतल्या कर्तव्य भवनांत हाचें उक्तावण करतल्यो.

West Asia – 80

पश्चिम आशियांतल्या बदलत्या परिस्थितीच्या फाटभुंयेर, ऊर्जेची पुरवण, सागरी कामकाज आनी भारतीय नागरिकांक आदार दिवपा खातीर सरकार सगळी पावलां उखलता अशे सरकारान स्पष्ट केला. पेट्रोलियम आणि नैसर्गिक वायू मंत्रालयाने दिलल्या माहितीप्रमाण, एलपीजीची साठेबाजी आनी काळाबाजार आळाबंदा हाडपा खातीर देशभरात अंमलबजावणीची कारवाई सातत्यान सुरू आसा. मार्शल आयलंडचो ध्वज आशिल्ली आणि 46,313 मेट्रिक टन एलपीजी घेवन येवपी एमटी सर्व शक्ती या जहाजान सुरक्षीतपणान हॉर्मुझची सामुद्रधुनी ओलांडली अशी म्हायती सरकारान दिली. ह्या म्हयन्याच्या 13 तारखेक हें जहाज विशाखापत्तनमात पावपाची शक्यताय आसा.

OPEC – 80

अस्तंत आशियांत सुरू आशिल्ल्या संघर्षाच्या फाटभुयेर, पेट्रोलियम निर्यात करपी देशांच्या संघटनेन ( OPEC plus ) जून म्हयन्या खातीर तेल उत्पादनाचें लक्ष्य वाडोवपाक तत्वतः मान्यताय दिल्या. संयुक्त अरब अमिरात भायर सरल्या उपरांत काल जाल्ल्या आपल्या पयल्या व्हर्च्युअल बसकेंत, ओपेक प्लसच्या सात देशांनी फुडल्या म्हयन्यांत तेल उत्पादनाचें लक्ष्य दिसाक सुमार १ लाख ८८ हजार बॅरल वाडोवपाचेर सहमती दाखयली. वांगडी देशांनी सांगलें, ते बाजारांतले परिस्थितीचेर बारीक नदर दवरून ताचो अदमास घेतले. भू-राजकीय संकश्टाच्या काळात सेगीत तिसऱ्या खेपे मासिक तेल उत्पादन वाडोवपाचो निर्णय घेतला.

Fadnavis – 90

पुणे जिल्ह्यांतल्या नसरापूरांत अल्पवयीन चलयेचेर बलात्कार आनी खून केल्ल्या प्रकरणातल्या आरोपींक खर ख्यास्त मेळची हे खातीर राज्य सरकार गरजेचीं सगळीं पावलां उबारता अशें महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी आश्वासन दिलां.

ही एक गंभीर घडणूक आशिल्ल्याचें सांगून, ह्या खटल्याची सुणावणी 'फास्ट ट्रॅक' कोर्टांत करपाचे यत्न सुरू आसात, अशें ताणीं मुखार सांगलें.
राष्ट्रीय महिला आयोगाच्यो अध्यक्षा विजया रहाटकर हांणीय हे घडणुकेचो खर निशेध केला.
Aadhar – 90
या वर्षाच्या अखेरपर्यंत आधारचे स्वरुप बदलुंक शकता आनी ताजेर फक्त एक छायाचित्र आणि क्यूआर कोड आसूंक शकता अशा आशयाच्या बातम्यांचे आणि समाज माध्यमावेल्या पोस्टांचे इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी आयटी मंत्रालयान खंडन केला. मंत्रालयान स्पश्टीकरण दिलां की अशा प्रकारचे बदल करपाचे कसलेच नियोजन ना. अशा प्रकारच्यो बातम्या आणि समाज माध्यमांवेल्या पोस्ट्सक लागून नागरिकांच्या मनात विनाकारण गोंदळ निर्माण जावपाक लागला अशें तांणी म्हणलां. अशा बातम्या कडेन आनी सोशल मिडिया पोस्टां कडेन दुर्लक्ष करपाचो सल्लो नागरिकांक दिला, आनी UIDAI न ताच्या अधिकृत सोशल मिडिया हॅंडल आनी पीआयबी वरवीं जारी केल्ल्या प्रसिद्धीपत्रकांचेर विश्वास दवरपाचो सल्लो दिला.
IMD – 70
भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, उत्तर प्रदेश आनी उत्तराखंडात  गडगड आनी कर्‍यांच्या पावसाचो अदमास उक्तायला. जम्मू-काश्मीर, लदृाख, झारखंड, मध्य प्रदेश आनी ओडिशाच्या कांय वाठारांनीय अशीच हवामानाची परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. तशेंच बिहार, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय,केरल, नागालॅंड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, उत्तराखंड आनी अस्तंत बंगालात काय सुवातींनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आंध्र प्रदेशांत दर्यादेगेवेल्या वाटारांत आयज उश्ण आनी दमट हवामानाची परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.
IPL – 110
IPL क्रिकेटांत, काल रातीं अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमांत गुजरात टायटन्सान पंजाब किंग्साचेर चार विकेटींनी जैत जोडले. पंजाब किंग्सान दिल्ल्या 164 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फाटलाव करतना  गुजरात टायटन्सान १९.५ ओव्हरीन ६ बाद 167 धांवड्यो केल्यो.

हैदराबादच्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय स्टेडियमांत जाल्ल्या मॅचींत कोलकाता नाईट रायडर्सान सनरायझर्स हैदराबादक सात गड्यांनी हारयलो.

आयज मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर मुंबय इंडियन्स लखनौ सुपर जायंटस आड खेळटलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.

Announcement – 100

आकाशवाणी पणजी 'कॅज्युअल असाइनीज', न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयता. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय. इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो. निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली. अर्ज करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026. अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.